गंगे 80

गंगा न्हंय ही भारताची जीवन रेखा - पवित्र, शाश्वत आनी भारताचे अर्थवेवस्थेची एक म्हत्वाची नस . नरेंद्र मोदी सरकारान जून 2014 वर्सा सुरू केल्ली नमामी गंगे कार्यावळ ही गंगा न्हंयेची भलायकी पुनर्संचयित करपा खातीर एक महत्वाकांक्षी आनी समग्र उपक्रम. गंगा नितळ करप ही सामुहीक जापसालदारकी अशें प्रधानमंत्री मोदी हानी भर दिला.

एकेकाळार अशक्य सपन म्हणून पळयताले तें नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल राश्ट्रीय चळवळींत रुपांतरीत जालां. दीर्घकाळ दुर्लक्षित जाल्ली पवित्र गंगा आतां नव्या आशेन व्हांवता, कारण श्रद्धेप्रती आता तीव्र कृती आणि दृष्टिकोन प्रत्यक्षात आयला

टायगर 80

प्रकल्प टायगर आनी प्रकल्प लायन ते महत्वाकांक्षी प्रकल्प चीता मेरेन ह्या राष्ट्रान अधिवास घटमूट केल्या आनी एकेकाळार ना जाल्यो जाती प्रजाती पुनर्संचयित केल्यांत. आयज भारतांत संवसारांतली सगळ्यांत चड रानटी वागांची संख्या आसा. आशियाई शींवांची संख्या ८९१ मेरेन वाडल्या. सात दशकां उपरांत चीता देशांत परतले आनी प्रकल्प चीताचो एक भाग म्हूण भारतीय भूयेचेर नव्या पिलांक जल्म दिला अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सांगले .

‘एक पेड माँ के नाम’ मोहिमेअंतर्गत १४२ कोटी वयर झाडां लायल्यात, जाका लागून पर्यावरणांविशी आपलेपणाची भावना निर्माण जाल्या.

स्वच्छ भारत 90

स्वच्छ भारत अभियान सुरू जावन इकरा वर्सां जालीं.कोणी विचारुय करूंक नासतलो कि लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान स्वच्छता क्रांतीची सुरवात शौचालय बांधून नितळसाण क्रांती जातली. पूण 15 ऑगस्ट 2014 दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अशेंच कितें केले.

नेचर नेमाळ्यांत हालींच एक संशोधनात्मक निबंद उजवाडाक आयला, तातूंत भारतांत उक्ताडार शौचाक बसपाचे सोपले उपरांत जाल्या बदलांबाबत एक संशोधन पत्र प्रकाशित जाला. कॅलिफोर्निया विद्यापिठान आनी ओहायो स्टेट युनिव्हर्सिटीन केल्ल्या अभ्यासांत म्हणला कि हाका लागून दर वर्सा सुमार 70 हजार मरण येवपाक आळाबंद हाडपाक येस मेळ्ळां आणी ह्या काऱ्यक्रमान जायत्या बायलांचें जिवीत बदललां; अशीच एक बायल म्हळ्यार चामोली जिल्ह्यांतली किरण देवी सांगता

Isro 50

इस्रोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले की, ऑपरेशन सिंदूर वेळार, सगळ्या भारतीय उपग्रहांनी चोवीस तास काम केले आणि आवश्यकता पूराय केल्या. नवी दिल्लीत एका कार्यक्रमात उलयताना, नारायणन हाणी अधोरेखित केले की इस्रो भारताची तांत्रिक धार कशी घटमुट करता, स्थानिकीकरण आणि तंत्रज्ञान हस्तांतरणाक चालना दिता आणि देशाक जागतिक अंतराळ फुडारी म्हणून स्थान दिवपाक अंतराळ उद्योजकता कशी चलयता

जयशंकर 30

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी आज तिसऱ्या ग्लोबल साउथ यंग डिप्लोमॅट्स फोरमच्या सहभागीं वांगडा संवाद साधलो. सोशल मीडिया पोस्टत, डॉ. जयशंकर हाणी ग्लोबल साउथ अजेंडा मुखार व्हरपी भावना आणि एकतेचेर उजवाड घालो..

बुद्धिबळ - 40

बुद्धिबळात, भारताच्या दिव्या देशमुखान, उझबेकिस्तानात जाल्या FIDE ग्रँड स्विस २०२५ च्या उक्त्या गटात, तिचे पयले जैत जोडले. काल चौथ्या फेरयेत, इजिप्तच्या GM बसेम अमीनचो ताणे पराभव केलो.

हवामान - 20

भारतीय हवामान खात्यान आयज, उपहिमालय अस्तंत बंगाला सयत, ईशान्य भारतात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.आयज सौराष्ट्र, कच्छ, छत्तीसगड, अस्तंत राजस्थान, मध्य प्रदेश आनी उत्तराखंडातय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.